3.03.2026 सकाळी 7.25 वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

गोवा शिपयार्ड लिमिटेड म्हळ्यार जीएसएलआन इतिहासिक पावंडो गाठत भारत सरकारकडल्यान 'शेड्युल बी'वयल्यान 'शेड्युल ए' केंद्रीय भौशिक क्षेत्र उपक्रम (सीपीएसई) दर्जो मेळयला. अर्थ मंत्रालयाखाला भौशिक उपक्रम विभागान 25 फेब्रुवारी 2026 दिसा ही मान्यता प्रदान केल्या.

हो निर्णय जीएसएलाची सेगीत उदरगत, कार्यकारी उत्कृश्टताय आनी संस्थात्मक परिपक्वता हातूंत म्हत्वाचो मार्गदर्शक पावंडो थारता.

फाटल्या कांय वर्सां भितर जीएसएलान भारतीय नौदल, भारतीय दर्यादेग राखण अश्या क्षेत्रांत म्हत्वाची सुवात निर्माण केल्या. ही उदरगत कंपनीच्या क्षमतेचेर सरकाराचो खर विस्वास दाखोवन दिता आनी देशी संरक्षण उत्पादन क्षमता घटमूट करपाखातीर ताची बांदीलकाय दाखयता.

भांडवली गुंतवणूक 2023-24 खातीर राज्यांक खास मजत, ह्या येवजणेखाला नूतनीकरण केल्ल्या फोंडे नगरपालिकेच्या ग्रंथालय आनी ई-वाचनालयाचे उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी केले. ग्रंथालयांत आधुनिक सुविधां उपलब्ध करून ग्रंथालयांचो दर्जो सुदारप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. हो उपक्रम भौशीक ग्रंथालयांचे आधुनिकीकरण आनी शिक्षण संसाधनांची सुविधा सुदारपा खातीरच्या राज्य सरकारच्या बांदीलकायेची देख आसा. सरकारन गोंयांत 168 ग्रंथालयांचे आधुनिकीकरण करपाची मोख दवरल्या आनी तातूंतल्या 20 ग्रंथालयांचे काम आदीच पूराय जाल्ले आसा. डिजिटल शिक्षणाच्या संदींक प्रोत्साहन दिवपा खातीर आनी ग्रामीण आनी शारी भागांमदले प्रवेश अंतर भरून काडपा खातीर केंद्र सरकारच्या मजतीन ई-वाचनालयाक सहकार्य करतात.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयच्या युगात अद्ययावत रावपा खातीर आधुनिक ग्रंथालयांनी पारंपरिक वाचन संस्कृतीक डिजिटल माच्येची जोड दिवपाची गरज उक्तायली.BYTE

पणजी शिगमोत्सव समिती वतीन ३ ते ८ मार्च मजगतीं ३७ व्या शिगमोत्सवा निमतान तरेकवार कार्यावळीचे आयोजन केला. आयज आझाद मैदानार गुलालोत्सव जातलो. जाल्यार ७ मार्चाक पोरणें सचिवालय ते कांपाल मैदान मेरेन चित्ररथ मिरवणुकेचें आयोजन केल्ल्याची म्हायती समितीचे अध्यक्ष श्रीनिवास धेंपो हांणी दिली. काल पणजे जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. आयज सकाळीं ९.३० वरांचेर श्री महालक्ष्मीचें दर्शन घेवन परंपरीक रोमटामेळ आझाद मैदानार पावतलो. उपरांत आझाद मैदानाचेर रंगपंचम जातली. फाल्या सांजे सात वरांचेर आझाद मैदानार संगीताची कार्यावळ जातली. ५ मार्चाक सिद्धकला, ६ तारखेक सुरसंगम, ७ तारकेक दोन 'यो घर तुमचेंच' हें कोंकणी नाटक जाल्यार ८ मार्चाक 'लावण्यखणी' हे कार्यावळीचें आयोजन केलां. रोमटामेळ लॉटरी पद्धतीन निवडटले. हे खातीर इत्सुकांनी ४ मार्चाक समितीच्या पणजेच्या कार्यालयांत सकाळीं १० ते दनपरां १ मजगतीं हाजीर रावचे.

मडगाव शिमगोत्सव समितीन आयोजीत केल्ल्या शिमगोत्सवाचें काल मडगावच्या पिंपळा पेडाचेर नाल्ल पूजून उक्तावण जालें. हे श्रीफळ समितीचे वरिश्ठ वांगडी अरुण रायकार हांणी ओपले. ते उपरांत हे श्रीफळ बॅंडाच्या तालार समितीच्या कार्यालयांत व्हरून थंय स्थापन केले. 12 मार्चाक शिमगोत्सव समितीच्या कार्यालयांत सत्यनारायण महापुजा जातली आनी शेनवारा 14 मार्चाक सांजवेळा 4 वरांचेर रोमटामेळ आनी चित्ररथांची मिरवणूक मडगाव जातली.

नवनियुक्त गोंय लोकायुक्त न्यायाधीश संदीप काशिनाथ शिंद□हांचो सोपू□विधी 4 मार्चाक सांज□च्या 5.00 वराचर□ लोकभवन, दोनापावला हांगा जा□लो, अशें दक्ष□ा खात्यान कळी□ क□ला.

राज्यांतल्या उत्तर गोंय जिल्ह्यातल्या पणजी शार म्हामंडळा खातीर मतदान आनी मेजणी दिसां पणजी शाराच्या अधिकार क्षेत्रांतलीं सगळीं परवानो आशिल्लीं सोरो विक्री केंद्रा 10, 11 आनी 13 मार्च, 2026 दिसा बंद उरतली अशें अर्थ खात्याच्या महसूल आनी नियंत्रण फाट्यान निर्देश दिल्यात.

उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिकाऱ्यान 6 ते 27 मार्च मेरेन जावपी राज्य विधानसभेच्या अर्थसंकल्पी अधिवेशन सत्र काळांत पर्वरीच्या विधानसभा प्रकल्पा सरभोवतणच्या 500 मिटर वाठारांत आनी पणजी पुलीस स्टेशनाच्या क्षेत्रांतलो खंयचोय भौशीक जागो, पायण, गल्ली, रस्तो, चौक वा खंयच्याय उकत्या जाग्यांचेर पाच वा चड व्यक्ती जमा जावपाक आनी मिरवणूक काडपाक वा आयोजीत करपाक बंदी घाल्या.